# <u>रानवटी जनावरां कडल्यान जावपी लुकसाणेखातीर दिवपात येवपी भरपाय येवजणेत सुदारणा</u>

ता. 06 मे 2020

रानवटी जनावरांच्या हल्ल्यात मनशाक मरण येवप, कायम अपंगत्व येवप वा दुखापत जावप तशेंच रानवटी जनावरांकडल्यान गोरवां वा मालमत्तेच्या लुकसाणी खातीर सरकारा कडल्यान दिवपात येवपी लुकसाण भरपाय येवजणेत सुदारणा केल्या आनी आतां ही येवजण “रानवटी जनावरां कडल्यान जावपी लुकसाणे खातीर भरपाय” ह्या नावांन वळखुपात येतली.

रानवटी जनावरांच्या हल्ल्यात मनशाक मरण आयल्यार 10 लाख रूपया, कायम अपंगत्व आयल्यार 5 लाख रूपया आनी कायम अपंगत्व सोडुन दुखापत जाल्यार 1 लाख रूपया वा उपचाराचो सगळो खर्च, जे कमी आसतले ते ह्या येवजणेखाला दितले.

रानवटी जनावरांच्या हल्ल्यात वासराक मरण आयल्यार 10 हजार रूपया, थळावी गाय, म्हस वा बैलाक मरण आयल्यार 25 हजार रूपया, जर्सी गायेक मरण आयल्यार 50 हजार रूपया, दुकर, मेंढरां वा बोकडांक मरण आयल्यार 5 हजार रूपया, गोरवांक दुखापत जाल्यार 15 हजार रूपया वा मोलावणी प्रमाण, जे कमी आसा ते आनी घर वा हेर मालमत्तेचे लुकसाण जाल्यार 25 हजार रूपया वा मोलावणी प्रमाण जे कमी आसतले ते दितले.

रानवटी जनावरांच्या हल्ल्यात मनशाक मरण येवपाची घडणूक अभयारण्य वा नॅशनल पार्कात घडिल्ली आसत जाल्यार, फकत त्या वाठारातलो कायदेशीर नागरीक वा अधिकृत भेट दिवपी मनशाखातीर लुकसाण भरपाय मेळटली. अभयारण्य वा नॅशनल पार्का भायर हल्ल्याची घडणूक घडिल्ली आसत जाल्यार खंयच्याय मनशाक लुकसाण भरपाय मेळटली. जाल्यार गोरवांचेर जावपी हल्ल्याच्या बाबतीत घडणूक अभयारण्य वा नॅशनल पार्कात जाल्यार लेगीत लुकसाण भरपाय मेळटली.

अभयारण्य वा नॅशनल पार्क वा पर्यावरणीय संवेदनशील वाठारात घडपी प्रकणांची चवकशी आनी लुकसाण भरपाय दिवपाची प्रक्रिया संबंदीत पार्क वेवस्थापक, उपरानपाल (रानजीव आनी ईको-टुरिजम) आनी विभागीय रान अधिकारी पुर्ण करतले , जाल्यार पर्यावरणीय संवेदनशील वाठाराभायर घडपी घडणूकांची चवकशी संबंदीत डीसीएफ (विभागीय) आनी आरएफओ (विभागीय) हाताळटले.

रानवटी जनावरांच्या हल्ल्यात गोरवांक मरण येवपाच्या घडणूकेखातीर लुकसाण भरपाय दिवपाखातीर मालकान संबंदीत लागीच्या पशुचिकित्सा अधिकाऱ्याच्या पोस्टमार्टम रिपोर्टासयत तीन दिसाभितर विभागीय रान अधिकाऱ्याकडेन दावो सुपूर्द करपाक जाय. पशुचिकित्सा अधिकाऱ्यान कागाळ मेळ्ळे उपरांत 48 वरांभितर घडणूकेच्या थळार भेट दिवन आपलो अहवाल तयार करपाक जाय आनी मालकाक दाखलो दिवपाक जाय.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/231

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA